**गोंय आदर्श आनी प्रगतीशील राज्य करपा खातीर एकजूटीन यत्न करपाचो मुख्यमंत्र्यांचो उलो**

ता. 19 डिसेंबर 2020

गोंय सगळें बाबतीत आदर्श आनी प्रगतीशील राज्य करपा खातीर लोकांनी कसलेय मतभेद आसल्यार ते कुशीक दवरून एकजूटीन यत्न करपाचो उलो मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज कांपाल पणजी हांगाच्या परेड मैदानाचेर आयोजीत राज्य पांवड्यावयल्या 60व्या मुक्ती दीस सुवाळ्यात उलयताना मारलो. आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपुर्ण गोंय मोहिमेची यशस्वी अंमलबजावणी करून राज्याक अनेक मळार आत्मनिर्भर करपाक सरकारान यत्न सुरू केल्ल्याचे तांणी सांगले.

सुरवातीक मुख्यमंत्र्यान राष्ट्रीय तिरंगो बावटो ह्वबोवन संचलनाची पळोवणी केली आनी मानवंदना दिली.

फुडें उलयताना मुख्यमंत्र्यान सांगले, थळाव्या संस्थांनी आपल्या वाठारांत वेगवेगळ्यां येवजणांची अंमलबाजावणी करून गांवची आनी समाजाची उदरगत करपाक फुडाकार घेवचो. सरकारान महात्मा गांधी जयंती दिसा सावन स्वयंपुर्ण गोंय मोहिमेखाला सुरू केल्ल्या यत्नांक फळ येवपाक लागला. सरकारान स्वयंपुर्ण मित्र म्हूण नेमणूक केल्ले अधिकारी ग्रामपंचायतीनी भेट दिवन पंच सदस्यांक आनी लोकांक वेगवेगळ्या येवजणांचेर मार्गदर्शन करता. जर प्रत्येक पंचायतीन आत्मनिर्भर जावपाचो यत्न केलो जाल्यार गोंय निश्चित स्वयंपुर्ण जातले, अशें तांणी सांगले.

कोवीड म्हामारीक लागून जेन्ना सगळो वेव्हार ठप्प जालो तेन्ना लोकांनी आनी खास करून युवा पिळगेन शेत लागवडी कडेन लक्ष दिवपाक सुरवात केली. आयज युवा पिळगेक शेत लागवडीचे म्हत्व कळपाक लागला, ही बऱ्याची गजाल जावन आसा. कोवीड म्हामारीक लागून आयज सबंद जगाचेर परिणाम जाल्लो आसा. लोकांच्या जीणेचेर परिणाम जाल्लो आसा. अर्थिक आव्हानां निर्माण जाल्यात. प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी आनी गृहमंत्री श्री. अमित शाह हांणी म्हामारीच्या परिस्थितीचेर मात करपा खातीर राज्यांक वेळार साधनसुविधा उपलब्ध केल्यो. तशेंच ल्हान-व्हड वेवसायिकांक आर्थिक मदत दिली. गोंय सरकाराच्या प्रशासकीय यंत्रणांनी कोवीडाचेर नियंत्रण मेळोवपा खातीर योग्य सहकार्य केले. कोवीड वॉरियरांनी आपल्या कर्तव्याक पाळो दिवन कोवीड दुयेंतींची काळजी घेतली, अशेंय तांणी सांगले.

हया वेळार मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं वेगवेगळ्या सेवा मळार उत्कृश्ट योगदान दिल्ल्या 57 अधिकाऱ्यांचो भोवमान केलो.

सुवाळ्याक केंद्रीय आयुषमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक, सभापती श्री. राजेश पाटणेकर, महसूलमंत्री श्रीमती जेनिफर मोन्सेरात, विरोधी फुडारी श्री. दिगंबर कामत, आमदार श्री. सुदीन ढवळीकर, श्री. फ्रान्सिस सिल्वेरा, पणजीचे महापौर श्री. उदय मडकईकर, मुखेल सचिव श्री. परिमल राय, सरकारी सचिव, डीजीपी श्री. मुकेश कुमार मिना, एडव्होकेट जनरल श्री. देविदास पांगम, हेर सरकारी धिकारी आनी स्वातंत्र्य सैनिक हजर आशिल्ले.

मुख्यमंत्र्यांचे सुवाळ्याच्या स्थळार महसूलमंत्री श्री. जेनिफर मोन्सेरात, मुखेल सचिव श्री. परिमल राय आनी पुलीस महासंचालक श्री. मुकेश कुमार मिना हांणी येवकार दिलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/746

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji